**कारगिल विजय दीस मनयलो**

ता. 26 जुलय 2021

देशाच्या हेर वाठारांप्रमाण गोंयांतय आयज कारगिल विजय दीस मनयलो. अखिल गोंय माजी सैनिक कल्याण संघटनेन पणजेच्या आझाद मैदानाचेर आयोजीत कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कारगिल युध्दातल्या हुतात्म्यांचो उगडास करून तांकां आर्गां ओपली. आमी हुतात्म्यांच्या त्यागापासून प्रेरणा घेवन देशाच्या फुडाराखातीर काम करपाक जाय. आमी आमचेमदी सदाच देशभक्तीची भावना जागोवपाक जाय. सैन्य दळांनी भरती जावन आमी देशाची सेव करपाचो यत्न करपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्या ह्या वेळार उलयताना सांगले.

पणजीचे म्हापौर रोहित मोन्सेरात, उपम्हापौर वसंत आगशीकार, ईडीसीचे अध्यक्ष श्री. सदानंद तानावडे, मेजर वेणुगोपाल नायर, अखिल गोंय माजी सैनिक कल्याण संघटनेचे अध्यक्ष अनंत जोशी, हेर अधिकारी, रॉटरी क्लब मिरामार आनी पर्वरीचे वांगडी आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

मेजर वेणुगोपाल नायर हांणी कारगिल युध्दाविशीं म्हायती दिली.

अखिल गोंय माजी सैनिक कल्याण संघटनेन शाळांच्या विद्यार्थ्यांखातीर आयोजीत केल्ल्या निबंध लेखन सर्तीतल्या जैतवंतांक ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/619

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji